# राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस मनयलो

ता. 12 जानेवारी 2026

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालयान मिरामारच्या व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या गिरायक कल्याण विभागाच्या सहकार्यान “डिजिटल न्यायवेवस्थे वरवीं कार्यक्षम आनी जलद निकाल” ह्या संकल्पने खाला राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस मनयलो.

कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे म्हूण भारतीय गिरायक म्हासंघाचें राष्ट्रीय अध्यक्ष डॉ. अनंत शर्मा हे उपस्थित आशिल्लें. तशेंच नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. जयंत तारी, व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. शबीर अली जी., गोंय राज्य जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगाच्यो वांगडी रचना ए. एम. गोन्साल्विस आनी उत्तर गोंय जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगाच्यो वांगडी रजिथा राजन, कायदो म्हाविद्यालयाचे शिक्षक आनी विद्यार्थ्यी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमात उलयतना नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. जयंत तारी हांणी गिरायक संरक्षण कायदो 2019 खाला गिरायक हक्क, चळवळ, कायदेशीर निर्णय आनी कायद्याच्या वेवस्थेत जाल्ली सुदारणा आनी विकासाचेर उजवाड घातलो. डिजिटल न्यायवेवस्थेचे म्हत्व सांगतना श्री. तारी हांणी विद्यार्थीं आनी शिक्षकांक गिरायक हक्क जागृकताय आनी नैतिक वेव्हाराक प्रोत्साहन दिवपा खातीर उपक्रम आयोजीत करपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी वेपारी, वेवसायिक आनी उद्देजकांक राष्ट्रीय गिरायक हेल्पलायन कार्यक्रमात वाटो घेवपाचोय उलो मारलो. पोर्टलाचेर नोंदणी करून गारांणी तत्काळ सोडोवपाची जापसालदारकी घेवप, गिरायकांमदी विश्वास निर्माण करप, आपलो नावलौकिक वाडोवप, कागाळींची सुनावणी जलद पुराय करपाक सहकार्य करप आनी गिरायकांक सोयिस्कर वातावरण तयार करपाक योगदान दिवपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें.

डॉ. अनंत शर्मा हांणी खास करून डिजिटल युगात गिरायक संरक्षण चळवळ आनी यंत्रणां मजबूत करपा खातीर गिरायक शिक्षीत आसपाची आनी संबंदीत यंत्रणांनी जापसालदारकी घेवपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें. गिरायकांक जलद न्याय दिवपा खातीर यंत्रणां कार्यक्षम आनी गिरायकां खातीर सुलभ आसपाक जाय अशें तांणी सांगलें. देशांत सामाजीक, सांस्कृतीक आनी राष्ट्रीय मुद्यांचेर जागृताय करपा खातीर भारत यात्रा आयोजीत करतले, अशी म्हायती तांणी दिली. ह्या यात्रेच्या माध्यमातल्यान तळागाळातल्या लोकांकडेन संपर्क आनी संवाद साधून लोकांक शिक्षीत करपात येतले, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालय आनी व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या गिरायक कल्याण विभागान आयोजीत केल्ल्या विवीध सर्तींच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली.

गोंय राज्य जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगाच्यो वांगडी रचना ए. एम. गोन्साल्विस हांणी “डिजिटल न्यायवेवस्थे वरवीं कार्यक्षम आनी जलद निकाल” ह्या विशयाचेर जाल्यार उत्तर गोंय जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगाच्यो वांगडी

रजिथा राजन हांणी “गिरायकांक न्याय प्रक्रिया सुलभ करपा खातीर तंत्रज्ञानाची भुमीका” ह्या विशयाचेर मार्गदर्शन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/40

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.